# आमच्या खातीर राज्याची प्रतिमा सर्वोच्च आसा- राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यक्रमात  मुख्यमंत्र्यांचे सांगणे

ता. 17 नोव्हेंबर 2025

आमच्या खातीर राज्याची प्रतिमा सर्वोच्च आसा आनी ती राखपा खातीर आमी सगळ्यांनी मेळून काम करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आयज म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकांर संघ, गोंय फोटो पत्रकांर संघटना, इलेक्ट्रॉनिक माध्यम पत्रकांर संघटना, खेळां पत्रकांर संघटना आनी दक्षीण गोंय पत्रकांर संघटनेच्या जोड पालवान पणजे इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत  आयोजीत राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव श्री. सरप्रित सिंग गील कार्यक्रमाक मानाचे सोयरे म्हूण उपस्थित आशिल्लें.

पत्रकारांनी राज्याच्या विकासा खातीर नैतिकता आनी सत्याची बाजू घेवन पत्रकारिता करपाची गरज आसा. खंयच्याय विशयाचेर लोकांची दिशाभूल जावची न्हय हे खातीर पत्रकारांनी जे कित्ये सत्य आसा ते लोकांमूखार हाडपाची गरज आसा. सरकार लोक आनी राज्याच्या विकासा खातीर काम करता आनी बरे काम करतना सरकाराचेर टीका करून लोकांचे आनी राज्याचे लुकसाण करचे न्हय, असें तांणी सांगलें.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान पत्रकांर आनी प्रसार माध्यमांचे प्रस्न आनी मागण्यों सोडोवपा खातीर लक्ष घालपाचे उतर दिले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर ज्येश्ठ पत्रकार  आनी नामनेचे व्यंगचित्रकार श्री. आलेक्सी फर्नांडिस  हांका जीणेगौरव पुरस्कार भेटयलो.

तशेंच मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं ज्येश्ठ पत्रकार ज्योईल आफोंस (द गोवन एव्हरीडे), जय नाईक (तरूण भारत), अतुल पंडित (भांगरभूंय), बबन भगत (नवप्रभा), नंदेश कांबळी (नवहिंद टायम्स) हांचो पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर ह्या वेळार सत्कार जालो.

तशेंच राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजीक सलोखो गटांत उत्कृश्ट संपादक  पुरस्कार गोवन वार्ताचे संपादक श्री. पांडुरंग गावकार, ग्रामीण पत्रकारिता गटात लोकमतचे पत्रकार श्री अजय बुवा, भौशीक भलायकी आनी नितळसाण पत्रकारिता गटात नवहिंद टायम्सचे वरिश्ठ उपसंपादक आनी पत्रकार रमनदीप कौर, बायला-भुरगीं आनी सामाजिक पत्रकारिता गटात द गोवनच्यो वरिश्ठ पत्रकार विभा वर्मा, खेळा पत्रकारिता गटात टाईम्स इंडियाचे खेळां संपादक मार्कुस मर्गुल्हो, कला-संस्कृती पत्रकारिता गटात टाईम्स इंडियाच्यो सहाय्यक मेट्रो संपादक गौरी मळकर्णेकर, फोटो पत्रकारिता गटात टाईम्स इंडियाचे सहाय्यक छायाचित्र संपादक राजतिलक नाईक, शिक्षण  पत्रकारिता गटात नवहिंद टायम्सच्यो वरिश्ठ पत्रकार आनी उपसंपादक ख्रिस्तिन माशादो आनी सरकारी प्रगतीचेर पत्रकारिता गटात भांगरभुंयचे वरिश्ठ पत्रकार समिप नार्वेकर  हांका गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार भेटयलो.

तशेंच म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत फोटा सर्तीतल्या जैतिवंतांक ह्या वेळार इनामां भेटयली.

उपरांत "पत्रकारित बायला, आव्हानां आनी संदी" ह्या विशयाचेर चर्चासत्र जालें. तातूंत ज्येश्ठ पत्रकार देवीका सिक्वेरा, श्रीमती गौरी मळकर्णेकर (टाईम्स इंडिया), श्रीमती संगीता नाईक (डिजिटल गोवा), श्रीमती डायना फर्नांडिस (नवहिंद टायम्स), श्रीमती प्रज्ञा गावकर राणे (दूरदर्शन) वाटो घेतलो.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी येवकाराच्या उलोवपात राष्ट्रीय पत्रकारिता दिसाचे म्हत्व सांगलें आनी पत्रकारांच्या कल्याणा खातीर खात्यावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणांची म्हायती दिली.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे जोड संचालक श्री. प्रविण शिरोडकर, म्हायती अधिकारी ऑल्विन परेरा, सहाय्यक लेखा अधिकारी हेजल आल्मेदा, कार्यालयीन अधिक्षक शैलेश नाईक आनी खात्याचे कर्मचारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

म्हायती सहाय्यक कु. उत्कर्षा भोस्कुटे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/880

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.